27th June 2026

8.40am

मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं सेशेल्स राष्ट्रीय दिसाच्या भांगरा महोत्सवाक, मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर रावपाक, तीन दिसांच्या सेशेल्स भोंवडेर वतले.

- केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज गुजरातांत, भारताची पयली सहकार आदारीत टॅक्सी सेवा - 'भारत टॅक्सी'चो शुभारंभ करतले.

- भूकंपग्रस्त व्हॅनेझुएलांच्या मजतीखातीर ऑपरेशन 'अमिस्ताद' खाला, भारतान मानवतावादी मजत आनी भलायकी उपकरणा धाडली.

- एफ.आय.एच दादल्या प्रो हॉकी लीगात, भारतान पाकिस्तानाक 7 आड 1 अशे हरयले.

- फिफा विश्वचषकात फ्रांसान नॉर्वेचेर 4 आड 1 जाल्यार, सेनेगलान इराकाचेर 5 आड 0 अशी मात केली.

पीएम सेशेल्स -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं तीन दिसांच्या, सेशेल्स राष्ट्रीय दिसाच्या भांगरा महोत्सवाक, मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर रावपाक, सेशेल्सच्या भोंवडेर वतले. प्रधानमंत्री हाचे आदीं 2015 वर्सा सेशेल्साक गेल्ले. ह्या सुवाळ्याक भारतीय संरक्षण दळाचो एक पंगड, भारतीय नौदलाच्या दोन तारवां वांगडा वांटो घेतले, अशें विदेश वेव्हार मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी, सेशेल्सचे राष्ट्रध्यक्ष डॉ. पॅट्रिक हर्मिनी हांचेकडे चर्चा करतले. प्रधानमंत्री सेशेल्सच्या राश्ट्रीय सभेंत उलयतले आनी भारतीय समुदायाकडेन लेगीत संवाद सादतले. तशेच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी आंतरराष्ट्रीय प्रस्नांचेर, विचारांचे दिवप-घेवप करतले.

Amity Shah Gujrat -

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज गुजरातांत गांधीनगरांतल्या, महात्मा मंदिरांतल्यान भारताची पयली सहकार आदारीत टॅक्सी सेवा- 'भारत टॅक्सी' सुरू करतले. मंत्री शाह जायते मुखेल उपक्रम सुरू करपा खातीर आनी पुनरा-वलोकन बसका घेवपा खातीर, तीन दिसांच्या गुजरात भेटीचेर आसात. मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल, उपमुख्यमंत्री हर्ष संघवी, सहकारी क्षेत्रांतले प्रतिनिधी आनी 4 हजारां वयर वाहन चालक-जाका 'सार्थी' अशें म्हण्टात- ते ह्या कार्यावळींत वांटो घेतले. सगळ्यांत बरे कामगिरी करपी ड्रायव्हरांक प्रमाणपत्रां दितले.

व्हॅनेझुएलां Help -

व्हॅनेझुएलांत जाल्ल्या विध्वंसक भूंयकांपाक लागून व्हडा प्रमाणांत जीव गेले, लोक जखमी जाले आनी व्हड लुकसाण जाले, ताका जाप दितना, भारतान ऑपरेशन 'अमिस्ताद' सुरू केलां. 'ऑपरेशन अमिस्ताद' हें व्हॅनेझुएलाच्या लोकांप्रती एकचार दाखोवपी मानवतावादी मजत आनी आपत्ती निवारण मोहीम आसा. विदेश वेव्हार मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां की, हे कारवायेचो एक भाग म्हूण, भारतीय वायुसेनेचीं दोन सी-17 ग्लोब-मास्टर विमानां काल व्हॅनेझुएलाक वचपाक भायर सरलीं, तातूंत मदत पुरवण आनी चालू आशिल्ल्या आदार आनी बचाव यत्नांक मजत करपा खातीर 41 वांगड्याचो बचाव पंगड धाडला. ह्या मजतीत भारतीय वैजकी कार्यदळ, एच.ए.डी.आर पॅलेट आनी वखदां आशिल्लो भारतीय लश्करी फिल्ड हॉस्पिटल युनिट, 30 टन मदत पुरवण, 6 टन वखदां आनी हेर वैजकी उपकरणांचो आस्पाव आसा.

Shipping Goa Sonowal -

जहाज बांधणी क्षेत्रात जहाज बांधणी मळार, भारताक संवसारीक पांवड्यार केंद्र करपाची मोख, भारत सरकारान दवरल्या, अशे केंद्रीय बंदर, जहाज येरादारी आनी उदकामार्ग मंत्री सर्बानंद सोनोवाल हांणी म्हणला. ते बंदर कप्तान कार्यालयाच्या नव्या वास्तूच्या उक्तावणा वेळार उलयताले.

(Byte – Sarbanand Sonowal Captain of Ports Inaugration)

आपल्या मंत्रालयावरवी गोंयात मेरी-टायम क्षेत्रात केंद्र सरकार 2 हजार कोटीचे प्रकल्प चालीक लायतले, अशी म्हायती मंत्री सोनोवाल हाणी दील्या. हे शिवाय, बेगीनुच गोयांत, वा ॅटर मेट्रो सुविधा सुरू करपाचे आस्वासन, मंत्री सोनोवाल हांणी दीले.

Piyush Goel -

भारत-ब्रिटनाचे व्यापक अशे अर्थीक आनी वेपार करार (सीईटीए) वरवीं भारत-ब्रिटनाचे संबंद व्याख्यात्मक तत्वा कडेन वतात, अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलें. काल लंडनांत जाल्ल्या बिझनेस प्लेनरी सत्रांत संबोधन करतना मंत्री गोयलान सांगलें की, मुखार आशिल्ल्या अफाट संदिचेर एकवटीत विस्वास दवरून, वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या फुडाऱ्यां कडेन संवाद सादप हें महत्वाचे आसा. तशेंच दोनूय राश्ट्रांनी नवनिर्माणाक गती दिवपाक आनी चड महत्वाकांक्षेन गुंतवणूक करपाक एकठांय येवचे, असो उलो मंत्री गोयल हाणी मारलो.

Amit Shah on drug -

घुंवळे वखदांक  लागून राश्ट्रीय सुरक्षा, समाजीक स्थिरताय, अर्थीक हितसंबंद आनी देशांतल्या तरणाट्यांच्या फुडाराक धोको निर्माण जाता, अशें सांगून केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी घुंवळे वखदा आड एकवटीत झुज दिवपाचो उलो मारला. हे विशी उलयताना तांणी सांगलें, कि

देशांत घुंवळे वखदां आनी तांच्या वेपारी जाळया आड लढो दिवपाखातीर, समन्वय आनी तंत्रगिन्यानाचो वापर गरजेचो आसा, हाचेर केंद्रीय घरमंत्र्यांनी भर दिलो आनी म्हटलें, कि

T20 Cricket -

आयर्लंडांतल्या बेलफास्टांत जाल्ल्या, दोन मॅचीच्या  टी-20 माळेच्या पयल्या मॅचींत, आयर्लंडान काल भारताक 34 धांवड्यांनी हारयलो. हाका लागून, आयर्लंडाक भारताचेर पयलेच खेपे जैत मेळ्ळां. 183 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करपी भारतीय पंगड, 19 ओव्हरींनी 148 धांवड्यो करून आउट जालो. पयली फलंदाजी करपी आयर्लंडान, निर्धारित  20 ओव्हरींनी 9 बाद 182 धांवड्यो केल्ल्यो. मॅथ्यू हॅलार्ड हाका, 'प्लेयर ऑफ द मैच' म्हूण वेंचून काडलो. फाल्यां हे माळेतली दुसरी आनी निमाणी टी-20 मॅच जातली.

FIFA -

काल फिफा विश्वचषक 2026 गट 'आय' च्या  मॅचींत, फ्रांसान नॉर्वेचेर 4 आड 1 अशी मात केली. आनी सेनेगलान इराकाचेर 5 आड 0 अशी मात केली. ह्या जैताक लागून फ्रांस पयल्या गटांत पयल्या क्रमांकाचेर पावलो. नॉर्वे स गूण घेवन, 32वे फेरयेंत पावला, जाल्यार सेनेगल हे निमाणे फेरयेंत पावपाच्या सर्तींत फाटी उरला.

हॉकी -

एफ.आय.एच दादल्या प्रो लीग हॉकींत, लंडनांतल्या 'ली व्हॅली हॉकी' आनी टेनिस सेंटरांत भारतान पाकिस्तानाक 7 आड 1 अशे हरयले. अबू बकरान पाकिस्तानाक सुरवेक आघाडी दिले उपरांत, भारतान सात वेगवेगळ्या तरेन गोल करून आघाडी घेतली. फाल्यां भारत, इंग्लंडा आड खेळटलो.

Weather –

भारतीय हवामान खात्यान आयज उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, आसाम आनी मेघालयात मोठ्या प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.  हवामान खात्यान बिहार, छत्तीसगढ, कोंकण, गोंय, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, केरळ, माहे आनी ईशान्य भारताच्या कांय वाठारांनी  लेगीत व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. जाल्यार, उदेंत उत्तर प्रदेशात खर उश्णताय ल्हारांची परिस्थिती, येवपाची शक्यताय आसा.

परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सकाळीं सेशेल्स राष्ट्रीय दिसाच्या भांगरा महोत्सवाक, मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर रावपाक, तीन दिसांच्या सेशेल्स भोंवडेर वतले.

- केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज गुजरातांत, भारताची पयली सहकार आदारीत टॅक्सी सेवा - 'भारत टॅक्सी'चो शुभारंभ करतले.

- भूकंपग्रस्त व्हॅनेझुएलांच्या मजतीखातीर ऑपरेशन 'अमिस्ताद' खाला, भारतान मानवतावादी मजत आनी भलायकी उपकरणा धाडली.

- एफ.आय.एच दादल्या प्रो हॉकी लीगात, भारतान पाकिस्तानाक 7 आड 1 अशे हरयले.

- फिफा विश्वचषकात फ्रांसान नॉर्वेचेर 4 आड 1 जाल्यार, सेनेगलान इराकाचेर 5 आड 0 अशी मात केली.